# गृहआधार आनी लाडली लक्ष्मी येवजणेची मंजूरी पत्रां भेटयली

ता. 19 फेब्रूवारी 2018
30 माघ 1939

पर्यटनमंत्री श्री. मनोहर आजगांवकर हांणी शेनवारा पेडणे म्हालातल्या 116 लावधारकांक गृह आधार आनी लाडली लक्ष्मी येवजणेची मंजूरी पत्रां भेटयली.

ह्या वेळार उलयताना श्री. आजगांवकर हांणी गृह आधार येवजणेंक लागून गृहिणीवयले अर्थीक वजे कमी जाला आनी राहणीमान सुदारपाक मदत जाल्या तशेंच लाडली लक्ष्मी येवजणेंक लागून आपल्या चलयेच्या लग्नावेळार पालकांच्या मुखार निर्माण जावपी अर्थीक अडचण पयस जावपाक मदत जाल्या, अशें सांगले.

श्री. आजगांवकर हांणी अशो कल्याणकारी येवजणों सूरू केल्लेखातीर मुख्यमंत्री श्री. मनोहर पर्रीकर हांची तोखणाय करून लोकांनी सरकारान सूरू केल्ल्या येवजणांचो चडात चड फायदो घेवपाचो उलो मारलो. पेडणे वाठारात येवपी आंतरराष्ट्रीय खेळा मैदान, मोपा विमानतळ, रविंद्र भवन अशां प्रकल्पाक लागून ह्या वाठारातली बेकारीची समस्या सुट्टली, अशेंय तांणी सांगले.

ह्या वेळार वझरीच्यो सरपंच श्रीमती संगीता परब, वारखंडचे सरपंच श्री. मंदार परब, हंसापूरचे सरपंच श्री. संतोष मळीक, पेडणेचे उपनगराध्यक्ष श्री. दिपक मांद्रेकर, नगरसेवक श्रध्दा माशेलकर पंच श्री. रंगनाथ कलशावकर, समाज सेवक श्री. बाबी तिरोडकर आनी हेर मानेस्त हजर आशिल्ले.